**आमोणा हांगा सवाय धान्य दुकान चलोवपा खातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 14 जानेवारी 2021

दिवचल तालुक्यातल्या आमोणा गावांत सवाय धान्य दुकान चलोवपाखातीर सुशिक्षीत बेरोजगारांची सहकारी संस्था, नोंदणीकृत सहकारी संस्था, सुशिक्षीत बेरोजगार, ग्रामपंचायत आनी नागरी थळावी संस्था,अनुसूचीत जाती- जमातीतले सुशिक्षीत बेरोजगार, स्वातंत्र सैनिक, शारीरिक अपंगुळ आनी आवश्यक जागो आनी भांडवल आशिल्ल्या इत्सुक व्यक्तींकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

सुशिक्षीत बेरोजगारांची सहकारी संस्था आसल्यार चडशें सुशिक्षीत बेरोजगार मान्यताप्राप्त शाळेतल्यान शालांत परीक्षा उत्तीर्ण आसपाक जाय आनी रोजगार विनिमय खात्याकडेन नोंदणी जाल्ली आसपाक जाय. उमेदवारांची पिराय 18 ते 45 वर्सां मजगती आसपाक जाय. तशेंच उमेदवाराच्या कुटुंबातली खंयचीय व्यक्ती राज्यांत सवाय धान्य दुकान चलोवपी आसपाक जायना.

उमेदवारांचे अर्ज ता. 11 फेब्रुवारी 2021 मेरेन दिवचल तालुक्यातल्या नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याच्या कार्यालयांत पावपाक जाय.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/59

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji